Rajnath – 100

भारत शांतताये खातीर कटिबद्ध आसा पूण आक्रमकतायेक खर प्रतिसाद दितलो अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी स्पश्ट केलां. मध्य प्रदेशांतल्या महू हांगाच्या आर्मी वॉर कॉलेजींत संबोधन करतना संरक्षण मंत्र्यानि संघर्शा मदीं लेगीत संवाद म्हत्वाचो अशें सांगलें. भारतान केन्नाच कसलेंच झूज वा हल्लो सुरू करूंक ना अशें तांणी अधोरेखित केलें.

'रण संवाद' परिशदेंत सहभागी जाल्ल्या संरक्षण दळाक सुरक्षा आनी धोरणाचे वेगवेगळे आयाम समजून घेवपाचो उलो तांणी मारला.देशाची राखण फकत शिमेचेर सैनिक न्हय तर नवे तंत्रगिन्यान तयार करपी शास्त्रज्ञ, शस्त्र प्रणाली तयार करपी उद्देजक आनी फुडले पिळगेक झुजा खातीर तयार करपी शिक्षक हांचे कडल्यान जाता अशें संरक्षण मंत्र्यानि सांगलें.

CCEA – 80

अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन आयज कर्नाटक, तेलंगणा, बिहार आनी आसाम हांकां फायदेशीर तीन प्रकल्पांच्या मल्टी ट्रॅकिंग आनी गुजरातांतल्या कच्छच्या दुर्गम वाठारांक जोडपा खातीर नव्या रेल्वे मार्गाक मान्यताय दिल्या. ह्या उपक्रमांक लागून कनेक्टिव्हिटी मेळटली आनी प्रवासाची सोय सुधारतली तशेंच प्रवास खर्च उणो जातलो आनी तेल आयातीचेर अवलंबुन रावप उणें जातलें. हे प्रकल्प कार्बन उत्सर्जन उणें करपाक योगदान दितले आनी शाश्वत आनी कार्यक्षम रेल्वे ऑपरेशन्सक चालना दितले. तशेंच तांच्या बांदकामाक लागून सुमार 251 लाख मनीस-दिसांचो थेट रोजगार मेळटलो.

CBIC-GST - 70

केंद्रीय अप्रत्यक्ष कर आणि सीमाशुल्क मंडळान CBICन लोकांक माल आनी सेवा कराच्या दरां विशीं कसलोच अंदाज लावचो न्हय अशे आवाहन केला. सोशल मीडिया पोस्टत मंडळान म्हळां की या दरांबाबत निर्णय केंद्र आणि राज्यांचे प्रतिनिधी आशिल्ली जीएसटी परिषद घेता. मंडळान म्हळां की आगाऊ अंदाज लायिल्ल्यान अफवा पसरतात आणि हाका लागून शेअर बाजारात अस्थिरता निर्माण जावपाक शकता. तशेंच अंदू 3 आनी 4 सप्टेंबराक जावपी जीएसटी

काउन्सिल बसके उपरांत जावपी अधिकृत घोशणांची वाट पळोवपाचो सल्लो सीबीआयसीन सगळ्या भागधारकांक दिला.

SC:HC JUDGEMENT DELAYS - 110

सुनावणी सोंपतकच उच्च न्यायालयांनी निर्णय दिवपाक बरोच वेळ कळाव केल्ल्यान सर्वोच्च न्यायालयान खर हुस्को उक्तायला. अशा परिस्थितीक लागून न्यायालयीन प्रक्रिये वेलो याचिकाकर्त्याचो विश्वास तुटता अशे न्यायालयाचे म्हणणे आसा. न्यायमूर्ती संजय करोल आणि न्यायमूर्ती प्रशांत कुमार मिश्रा हांच्या खंडपीठान म्हळा की, जर राखीव दवरल्या उपरांत तीन महिन्यां भितर निकाल दिलो ना, तर रजिस्ट्रार जनरलांन हो खटलो उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायाधीशां समोर सादर करचो.मुखेल न्यायाधीश संबंदीत खंडपिठाक दोन सप्तकां भितर निवाडो दिवपाक सांगतले. तरी लेगीत हो आदेश दिलो ना जाल्यार मुखेल न्यायाधीश हे  प्रकरण दुसरे खंडपिठाक दितले अशें खंडपिठान सांगलें. दरेका उच्च न्यायालयाच्या रजिस्ट्रार जनरलान त्या म्हयन्या भितर राखीव निर्णय जाहीर जावंक नाशिल्ल्या प्रकरणांची वळेरी मुखेल न्यायाधीशाक दिवची पडटली. आनी अशे  तीन म्हयने करचे.

IMD – 60

फाल्यां मेरेन ओडिशा, छत्तीसगढ, आंध्र प्रदेशचो दर्यादेगेवेलो वाटार, तेलंगणा, मध्य महाराष्ट्र, केरळ आनी  कर्नाटकांच्या दर्यादेगेवेल्या वाटारांत उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तशेंच फुडल्या स-सात दिसांत वायव्य भारतांत खूब पावस पडपाची शक्यताय आसा. आकाशवाणीक दिलल्या खासा मुलाखतीत, ज्येष्ठ शास्त्रज्ञ डॉ. आर. के. जेनामानी हाणी म्हळें की, फाटल्या 24 वरांत जम्मूंतल्या जायत्या सुवातींनी असाधारणपनाण मुसळधार पावस पडला.70 वर्सांचो विक्रम मोडलो अशें तांणी सांगलें.

Ashwin Retirement – 50

भारताचो आदलो फिरकी गोलंदाज रविचंद्रन अश्विनान इंडियन प्रिमियर लीगांतल्यान निवृत्तीची घोशणा केल्या. सोशल मिडियाचेर पोस्टा वरवीं अश्विनान सांगलें की आतां संवसारभरांतल्या लीगांनी खेळपाचो अणभव मेळटलो.  ताणें आपल्या कारकिर्दींत जायत्या फ्रेंचाइजिचें प्रतिनिधित्व केलें, तातूंत चेन्नई सुपर

किंग्स, रायजिंग पुणे सुपरजायंट, पंजाब किंग्स, दिल्ली कॅपिटल्स आनी राजस्थान रॉयल्स हांचो आस्पाव जाता.

Football – 45

फुटबॉलाची संवसारीक शासन संस्था फिफा आनी आशियाई फुटबॉल संघटणेन अखिल भारतीय फुटबॉल संघटनेक खर शिटकावणी दिल्ल्यान भारतीय फुटबॉलाचेर आंतरराष्ट्रीय बंदी येवपाची भिरांत आसा. भारतीय फुटबॉल संघटणेन 30 ऑक्टोबर मेरेन नवे संविधान आपणावन ताका मान्यताय दिवची पडटली नाजाल्यार निलंबीत करपाचो धोको आसा अशें फुटबॉल नियंत्रीत मंडळांनी सांगलें.